प्रादेशिक ०४.०४.२०२६ @ ७.20 pm

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक विभागा

मुखेल खबरो

* गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी इस्टर निमतान गोयकारांक परबी भेटयल्या.

* दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एगना क्लेटस (आयएएस) हांच्या हाजिरेंत सगल्या नोडल अधिकाऱ्यां वांगडा पुनरावलोकन बसका जाली.

* राज्यांत येवपी वाहन चालकां खातीर मुळाव्या सुविधांविशी फोंडा हांगा येरादारी वेवसायिकांची खाशेली बसका जाली.

* गोंय राज्य उच्च शिक्षण संचालनालयान आपल्या प्रशासकीय नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या अनुदानीत कायदो म्हाविद्यालयांनी शिक्षणीक वर्स २०२६-२७ खातीर ऑनलायन प्रवेश सुरू केला.

आता पुराय खबरो

इस्टर २३५

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी ईस्टराच्या खुशालकायेच्या प्रसंगार समेस्त गोंयकारांक खास करून क्रिस्तांव भावांभयणांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. राज्यपालानी आपल्या संदेशात म्हटला कि, शांतीकायेचे प्रेषीत जेजू क्रिस्ताच्या कीर्तवंत पुनर्जीवनाचो दीस म्हूण ईस्टर मनयतात. ईस्टर पवित्र आनी म्हत्वाची परब, जी आस्ता, नवीनीकरण आनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जीणेच्या जैताचे प्रतीक आसा. ईस्टर आमकां दया, भोगसणे आनी श्रध्देच्या मुल्यांचो उगडास करून दिता, जी मुल्यां सलोख्याचो आनी आस्पावीत

समाज निर्माण करपाक आवश्यक आसा. आयच्या ह्या शुभ प्रसंगार आमी जेजू क्रिस्तान दाखयिल्ल्या मार्गार चलपाची आमची कटीबद्दता घट करूया आनी आमकां एकटाय बांदून दवरपी मुल्यांक उचलून धरूया, आनी आमच्या राज्याची प्रगती आनी भरभराटी खातीर यत्न करूया.

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंयकरांक इस्टराच्या निमतान परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी आपल्या संदेशांत म्हणलां की, "इस्टराक जेजू क्रिस्ताच्या पुनर्जीवनाची याद जाता. इस्टर हो वायट शक्तींचेर जैत मेळोवपाची म्हत्वाची खूण आनी दैवी प्रतीक. हो आनंद वांटपाचो वेळ. इस्टर भावार्थ आनी आशेचो खोलायेन संदेश दिता." मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी फुडें आपल्या संदेशांत म्हणलें कि, "इस्टर हो भावपण आनी मनीसपण सांबाळपाचो नव्या सुरवातीचो आनी प्रसंगाचो उत्सव. हो दीस आमकां आमच्या विवेकाक पाळो दिवपाची आनी आमी हेरां खातीर कितें करूंक शकतात तें करपाची याद करून दिता. गरजेवंतांक पावपाक, पिडितांक उबारपाक, आनी सगळ्यांनी एकठाय येवपाचे आवाहन करता अशें मुख्यमंत्री हांणी सांगलें. जेजू क्रिस्ताचीं उदात्त मुल्यां चड अर्थपूर्ण जिवीत जगपाक बळ दितात. ताची शिकवण दरेकल्याक रुपांतर करपाक आनी शांत जिवीत जगपाक आदार करता. सगळ्यां मदीं चड शांतताय, समृध्दी, सुख आनी एकचार मेळटलो अशे तरेन हो प्रसंग मनया अशें मुख्यमंत्र्यान निमाणें सांगलें.

DIP २९०

दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एगना क्लेटस हांच्या हाजिरेंत सगल्या नोडल अधिकाऱ्यां वांगडा पुनरावलोकन बसका जाली; एस. शार्यु आधे खर्च निरिक्षक; संतोष देसाय, पुलीस अधीक्षक रमेश गांवकार, अतिरिक्त कलेक्टर; आनी वेल्टन टेलीस, उपजिल्होधिकारी हांकां फोंडा विधानसभा मतदारसंघांतल्या येवपी पोटवेंचणुकेच्या नदरेन कायदो आनी सुवेवस्था परिस्थिती सयत सगळ्यो तयारी सुनिश्चीत करपा खातीर बसका जाली. हे बसकेंत पुलीस अधीक्षक अतिरिक्त जिल्लो दंडाधिकारी, उपविभागीय पुलीस अधिकारी ,रिटर्निंग अधिकारी, सहाय्यक रिटर्निंग अधिकारी, मुखेल कार्यकारी अधिकारी आनी वेगवेगळ्या खात्यांचे प्रतिनिधी सयत जायते वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सगल्या नोडल अधिकाऱ्यांनी वेंचणुके संबंदीत वेवस्थेची सध्याची स्थितीविशी म्हायती दिली. खर्च निरिक्षकान देखरेखीचे

उपाय घटमूट करपाचे निर्देश दिले; हातूंत सगळ्या प्रवेश आनी भायर सरपाच्या सुवातेर चेक पोस्ट स्थापन करप आनी दुबावीत रोख वेव्हाराचेर बारीक नदर दवरप हांचो आस्पाव आशिल्लो. सोरो, ड्रग्स आनी हेर प्रलोभनांचेर खर नदर दवरल्या आनी नेमाचें कसलेंय उल्लंघन जाल्यार कायद्याची अंमलबजावणी करपी संस्थांक बेगोबेग कारवाय करपाचो निर्देश दिला. सगळ्या मतदान केंद्रांचेर 'परवडपी उण्यांत उणी सुविधा' उपलब्ध आसा हाची खात्री करपाचेर भर दिलो आनी प्रलंबीत दुरुस्ती कामां पुराय करपा खातीर निर्देश दिले. तशेंच टपाल मतपत्रिकांचें योग्य वेवस्थापन, वेळार धाडप आनी सुरक्षीत सांठोवपाचेर भर दिलो; कसलीच अनियमितताय जावची न्हय म्हूण सीसीटीव्ही पळोवणी आनी खर निरिक्षण पद्दत चालीक लावपाचे निर्देश दिले. 'स्ट्रॉंग रूम' सुरक्षेचो नियाळ घेतलो आनी थंय घटमूट सुरक्षा वेवस्था, सतत सीसीटीव्ही पळोवणी आनी नियंत्रीत प्रवेश आसचे अशी दिका दिली. अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तीं खातीर आनी ज्येश्ठ नागरिकां खातीर सुलभताय उपायांचेर खाशेलें लक्ष दिला; हातूंत रॅम्प, व्हीलचेराची तजवीज आनी स्वयंसेवकांची मजत हांचो आस्पाव आशिल्लो. खास करून मतदाना दिसा आदीं म्हत्वाच्या 72 वरां खातीर 'मानक संचालन प्रक्रिया' तयार करपाचेर खासा लक्ष दिलें. तशेंच सगल्या खात्यांक एकामेकां कडेन लागींचो समन्वय दवरून भारताच्या वेंचणूक आयोगाच्या मार्गदर्शक तत्वांक खरपणान पाळो दिवपाचे निर्देश दिल्या.

'ईसीनेट' 65

मतदारांनी आपल्या विधानसभा मतदारसंघांतल्या उमेदवारांची शिक्षणीक पात्रताय आनी गुन्यांवकारी फाटभूंय हांचे विशीं सविस्तर म्हायती मेळोवपा खातीर 'ईसीनेट' प्लॅट फॉर्म वापरूं येता अशें वेंचणूक आयोगान स्पश्ट केलां. तशेंच उमेदवारांनी दाखल केल्लें पु राय प्रतिज्ञापत्र मतदार डावनलोड करूंक शकतात. ईसीनेट हि संवसारांलीसगळ्यां त व्हडलीवेंचणूक सेवा माची; वेंचणूक आयोगाचे 40 परस चड ॲप्लिकेशनां आनी पोर्टलां एकाच सुवातेर एकठांय करून, हो प्लॅटफॉर्म सगळ्या वेंचणूक सेवांचो सोपो अणभव दिता.

महेश 130

फोंडा हांगा येरादारी वेवसायिकांची खाशेली बसका जाली. हे बसकेंक रितेश नायक, आदले खासदार नरेंद्र सवाईकर, नगरसेवक वेंकटेश नायक, विनय सिंग, सुशील शर्मा, हेमंत पाटील आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. राज्यांत येवपी वाहन चालकां खातीर मुळाव्या सुविधांचो उणाव आसा अशें वेवसायीकांनी सांगलें. विश्रांती कक्ष, शौचालय, कॅन्टीन आनी वैजकी सेवांचो उणाव हो गंभीर प्रस्न आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें. गोयात माल येरादारी क्षेत्राक नवी दिशा दिवपी महत्त्वपूर्ण घोषणा करत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी फोंड्यात अत्याधुनिक ट्रान्सपोर्ट हब उभारपाचो निर्धार उक्तायलो. 24 वरां प्रवास करपी ट्रक चालकांक गरजेच्यो सगळ्यो सुविधा एकाच सुवातेर उपलब्ध करून दिवप हो सरकाराचो हेत आसा. फोंड्यात उभारपी हो ट्रान्सपोर्ट हब हो फक्त पार्किंग वा थांबो केंद्र नासून, तो 'वन-स्टॉपसोल्यूशन' म्हणून विकसित करतले. ह्या येरादारी केंद्राक लागून रोजगार मेळपाची शक्यताय आसा आनी लॉजिस्टिक केंद्र म्हणून फोंडाचें म्हत्व वाडपाची शक्यताय आसा.

कायदो - ऑनलायन प्रवेश सुरू 65

गोंय राज्य उच्च शिक्षण संचालनालयान आपल्या प्रशासकीय नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या अनुदानीत कायदो म्हाविद्यालयांनी शिक्षणीक वर्स २०२६-२७ खातीर ऑनलायन प्रवेश सुरू केला. तातूंत व्ही.एम.साळगांवकार महाविद्यालय मिरामार आनी कारे महाविद्यालय मडगांव हांचो आसपाव आसा. अधिकृत अधिसुचोवणे प्रमाण २ एप्रील ते १३ एप्रील २०२६ मेरेन ऑनलायन अर्ज करपाची मुजत आसा. बीए एलएलबी आनी हेर अभ्यासक्रमाखातीर प्रवेश मेळोवपाक सोदपी विद्यार्थ्यांक डीएचई गोंय संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्या समर्थ ई-गव्ह पोर्टला वरवीं अर्ज करपाक मेळटले.

**Ganesh Jawadekar 75**

केंद्र सरकारान हाडिल्ल्या 'जन विश्वास' विधेयकाक लागून वेगवेगळ्या क्षेत्रांत म्हत्वाची सुदारणा जावपाक लागल्या. हाका लागून राज्यांतल्या वेपार सुलभतायेंत खूब वाड जातली आनी विस्वासाचेर आदारिल्ल्या शासनाक चालना मेळटली, अशें जी सी सी आयन म्हणला.

ह्या विधेयकाक लागून गोंयचे अर्थवेवस्थेक, खास करून 'सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग क्षेत्राक व्हड लाव जातलो. राज्याच्या एकूण देशांतल्या उत्पादनांत 'एमएसएमई' क्षेत्राचें योगदान खूब आसा.

ह्या विधेयकाक लागून नियामक आडमेळीं उणीं जातलीं आनी उद्देजकतेक चालना मेळटली, अशे गोंय चेंबरची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हाणी सांगला.

पेट्रोल 180

पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां की, देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी उपलब्ध आसचे हे खातीर सरकार सगळे यत्न करता. पेट्रोल आनी डिझेलाची भियेवन खरेदी करप, तशेंच एलपीजीची गरजे भायर बुकींग करप टाळपाचो सल्लो मंत्रालयान दिला. पेट्रोलियम उत्पादनां आनी एलपीजीची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर मंत्रालयान सक्रिय पावलां उबारल्यांत अशें तातूंत सांगलां. पांच किलो सिलिंडर लागींच्या एलपीजी वितरण केंद्रांनी मेळटात आनी खंयचोय वैध आयडी पुरावो दाखोवन विकतें घेवंक मेळटात. पांच किलो सिलिंडर घेवपा खातीर पत्याच्या पुराव्याची गरज ना अशेंय मंत्रालयान स्पश्ट केलां. फाटल्या म्हयन्याच्या 23 तारखे सावन सुमार पाच किलोग्राम वजनाचे सुमार 5 लाख 70 हजार सिलिंडर विकल्यात अशीय म्हायती मंत्रालयान दिल्या. ऑनलायन एलपीजी सिलिंडर बुकींग करपाचें प्रमाण 95 टक्क्यां मेरेन वाडलां, आनी काल सुमार 51 लाख घरगुती एलपीजी सिलिंडर घरांनी पावयल्यात अशें मंत्रालयान सांगलां. तशेंच पीएनजी, इंडक्शन आनी इलेक्ट्रीक कुकटॉप सारकिले पर्यायी इंधन वापरपाक मंत्रालयान नागरिकांक प्रोत्साहन दिलां. फाटल्या म्हयन्या सावन 3.5 लाखां वयर पीएनजी जोडणी सक्रिय जाल्यात आनी 3.8 लाखां वयर गिरायकांनी नव्या जोडणी खातीर नोंदणी केल्या. सगले तेल शुध्दीकरण कारखाने पुराय क्षमतेन काम करतात आनी तांचे कडेन फावो तो कच्च्या तेलाचे सांठे आसात अशें मंत्रालयान सांगलां.

रश्मी १९०

2026 वर्साखातीर गोंय सरकारान वेगवेगळे उत्सव आनी उत्सव निमतान रातच्या 10 ते मध्यान रातीं 12 वरां मजगतीं ध्वनी वा भौशीक वेळार संगीत वापरपाची अधिकृतपणान परवानगी दिल्या. ह्या प्रकरणा संबंदी गृह खात्यान खाशेली अधिसुचोवणी जारी करून विशिश्ट दिसां खातीर आवाज प्रदुशणाच्या नेमांतल्यान दोन वरांची शिथीलताय दिल्या. हांतुन 4 एप्रिल इस्टराच्या आदल्या दिसा, 5 एप्रिल इस्टर दीस, 15 सप्टेंबर गणेश चतुर्थी (दुसरो दीस), 18 सप्टेंबर गणेश चतुर्थी (पांचवो दीस), 24 सप्टेंबर अनंत चतुर्दशी, 20 ऑक्टोबराक, नवरात्र (निमाणो दीस), 7

नोव्हेंबराक दिवाळी, 24 आनी 25 डिसेंबराक नाताळाच्या आदल्या दिसा आनी नाताळाचो26 ते 31 डिसेंबर मेरेन नव्या वर्साचो काळ ह्या दीसांचो आसपाव आसा.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

* गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी इस्टर निमतान गोयकारांक परबी भेटयल्या.

* दक्षिण गोंयची जिल्होधिकारी आनी जिल्लो वेंचणूक अधिकारी एगना क्लेटस (आयएएस) हांच्या हाजिरेंत सगल्या नोडल अधिकाऱ्यां वांगडा पुनरावलोकन बसका जाली.

* राज्यांत येवपी वाहन चालकां खातीर मुळाव्या सुविधांविशी फोंडा हांगा येरादारी वेवसायिकांची खाशेली बसका जाली.

* गोंय राज्य उच्च शिक्षण संचालनालयान आपल्या प्रशासकीय नियंत्रणा खाला आशिल्ल्या अनुदानीत कायदो म्हाविद्यालयांनी शिक्षणीक वर्स २०२६-२७ खातीर ऑनलायन प्रवेश सुरू केला.